# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक स्वातंत्र्य दिसाची परबीं</u>

ता. 14 ऑगस्ट 2024

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्वातंत्र्य दिसाच्या उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या आनी आमच्या देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक आर्गां ओपल्यात. आमच्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या म्हान त्यागाचो उगडास करतना तांणी आमच्या देशाक परकीय राजवटीतल्यान मुक्त करपा खातीर राष्ट्रभक्तीच्या भावनेतल्यान केल्ल्या अथक प्रयत्नांक नमन करूया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, “स्वातंत्र्य दीस हो आमच्या इतिहासाकडेन फाटी वळून पळोवपाचो दीस. स्वातंत्र्य दीस हो आमकां न्हय फकत आमी एक व्यक्ती, जाल्यार ह्या म्हान देशाच्या समाजाचो भाग आशिल्ल्याचो उगडास करून दिता. भारत देश हो लोकशाय वेवस्थेची जननी जावन आसा आनी पुरातन काळासावन आमच्या देशांत तळागाळांत लोकशाय संस्थांचे कार्य चलताले. पुण दीर्घकाळाच्या परकीय राजवटीक लागून आमच्या लोकशाय वेवस्थेच्या कार्याक खंड पडलो. राष्ट्रभक्त फुडारी आनी स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाक लागून 15 ऑगस्ट 1947 वर्सा भारत देश स्वतंत्र जालो आनी नव्या पर्वाक सुरवात जाली. आमी न्हय फकत परकीय राजवटी पासून स्वातंत्र्य मेळयले, जाल्यार आमचे भाग्य घडोवपाचे स्वातंत्र्य मेळ्ळे.

हे स्वातंत्र आमकां आमच्या देशाक शांतीकाय आनी समृध्दीच्या दिकेन घेवन वचपाची संद दिता. देशाच्या प्रत्येक नागरीकाचो विकास जावचो हे खातीर आमी एकवटान प्रयत्न करपाक जाय. आमच्या देशाची ताकद ही आमचो समृध्द वारसो आनी सांस्कृतीक परंपरेत आसा. आयच्या ह्या दिसा आमी आमच्या म्हान आनी सोबित राष्ट्राक नमन करतात. आत्मनिर्भरतेच्या भावनेतल्यान लोकांमदीं देशभक्तिची भावना वाडिक लागतली आनी देश मुखार वचपाक मदत जातली.

आयच्या ह्या स्वातंत्र्य दिसाच्या प्रसंगार आमच्या भारत देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर आपल्या जीणेचो त्याग केल्ल्या समस्त ज्ञात-अज्ञात शुर-विरांक काळजासावन आर्गां ओपपाक हांव म्हज्या मोगाळ नागरिकांमदीं सामील जाता. आमी आमच्या भुतकाळाचो उगडास करूया, आमच्या शुरविरांक नमन करूया आनी आमच्या देशाचो फुडार घडोवपाक कटीबद्द जावया.

तिरंगा उत्सवाची परंपरा कायम दवरपा खातीर प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी प्रत्येक भारतीयाक हर घर तिरंगा ह्या देशव्यापी मोहिमेत सहभागी जावपाचो उलो मारला. आमी सगळ्यांनी ह्या मोहिमेत सहभागी जावन देशाचे स्वातंत्र्य आनी अखंडता राखून दवरपा खातीर कटीबद्द जावया, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/404

--
-------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.